# हॉटेल, घरमालकांनी पर्यटक आनी भाडेकारांची माहिती दिवपाचो आदेश

ता. 12 ऑक्टोबर 2017
20 आश्विन 1939

दक्षिण गोंय जिल्होधिकाऱ्यान दक्षिण गोंयातले सगळे हॉटेल मालक, लॉजिंग ॲण्ड बोर्डींग मालक, खाजगी गेस्ट हाऊस मालक, रावपाची वेवस्था करपी धार्मिक संस्था, घर, बिर्डींग, फ्लॅट आनी राबीत्याची वेवस्था आशिल्ल्या हेर मालकांनी आपल्याकडेन सेवेचो लाव घेवपाक येवपी गिरायक, रावपाक येवपी पर्यटक आनी भाडेकारांची वेंचणूक कार्ड, वाहन परवानो, आधार कार्ड, पासपोर्ट अशा वळखपत्रावरवी वळख पटोवन तांची माहिती नोंद करून घेवची. हॉटेल मालकांक आपल्याकडेन येवपी गिरायकाविशीं कसलोय दुबाव आयल्यार लागीच्या पुलीस स्टेशनार माहिती दिवची. गरज पडल्यार आपल्या गिरांयकांची माहिती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाचो आदेश दिला.